Panaji regional 16 march 2026 at 7.25 am devashri

Cm 100

गोंयकार साहित्यकारांनी कोंकणी आनी मराठी भाशेंत तयार केल्लें उच्च दर्जाचे साहित्य हेर भाशांनी अणकारीत करून राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय पांवडवार गोंयकारांचे साहित्य मुखार हाडपाची गरज आसा. ते खातीर गोंयच्या कोंकणी आनी मराठी लेखकांनी तयार केल्ल्या गोंयच्या उच्च दर्जाच्या साहित्याच्या अणकारांक आदार दिवपाच्या हेतान 'कोंकणी भाषा उदरगत येवजण अंदुच्यान सरकार चालीक लायतलो. हे येवजणेखातीर सराकरान 10 लाख रुपयाची तजवीज केल्या. हे शिवाय 'राजभाशा प्रसार' येकजणेखातीर 10 लाख रुपयांची तजवीज केल्या. तशेंच नेमान मराठी आनी कोंकणींत नेमाळीं उजवाडावपी प्रकाशकांक फायदो जावचो म्हूण सद्याचे 'राजभाषा अक्षर मित्र' येवजणेंत योग्य रितीन बदल करपाचो निर्णय सरकारान घेतला अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी अर्थसंकल्प अधिवेशनात दिल्ली.

Cm 70

महाविद्यालय पांवड्यार संशोधन आनी नवनिर्माण घटमूट करपा खातीर राज्यभरांतल्या पदवीधर विद्यार्थ्यां मदीं घटमूट संशोधन बुन्याद तयार करपाचो उपक्रम 'PRAYOG' राज्य सरकार शिक्षण खात्यावरवी चालीक लायतलो. उच्च शिक्षण खात्यावरवी जावपी प्रयोग ह्या उपक्रमावरवी संशोधन पद्दत, शिक्षणीक लेखन, आनी दर्जेतार संशोधन-पड़ींत संरचित प्रशिक्षण दितले.

हे शिवाय उच्च शिक्षण संस्थांनी संशोधन क्षमता आनीक घटमूट करपा खातीर, Fund Connect' हो उपक्रम चालीक लावपाचो निर्णय सरकारान घेतला. ह्या

उपक्रमावरवी प्राध्यापक आनी विद्यार्थ्यांक संशोधन निधी मेळपाक आनी आणि घटमूट संशोधन प्रकल्प उबारपाक मदत जातली ashe mukhelmantri दोतोर प्रमोद सावंत hani sangle

100

केंद्रीय पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयान 'पीएनजी आनी 'एलपीजी' ह्यो दोनूय जोडणी आशिल्ल्या घरांक रोखडेंच आपले एलपीजी जोडणी रद्द करपाचे निर्देश दिल्यात. खंयच्याय व्यक्तीककडे  पीएनजी कनेक्शन आसल्यार ताका घरगुती एलपीजी कनेक्शन दवरपाक मेळचें ना आनी सरकारी तेल कंपनीं कडल्यान वा तांच्या अधिकृत वितरकां कडल्यान एलपीजी सिलिंडरांचें रिफिल करपाक मेळचें ना तशेच, अशे पीएनजी कनेक्शन आशिल्ल्या व्यक्तींक फुडाराक नवे एलपीजी कनेक्शन मेळचें ना अशें जारी केल्ले अधिसुचोवणेंत मंत्रालयान सांगलां.

मजगतीं आंतर मंत्रालयीन पत्रकार परिशदेंत पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयाची जोड सचीव सुजाता शर्मा हांणी नागरिकांनी एलपीजी सिलिंडर बुक करपाक धांवपळ करची न्हय आनी गरज पडल्यारच बुकिंग करचें अशें आवाहन केलें. **bytes Sec**

ganesh 80

आदले मुखेलमंत्री रवी नायक हांचे मरणाक लागून रित्या जाल्या फोंडा मतदारसंघा खातीर 9 एप्रीलाक पोटवेंचणूक जातली. केंद्रीय वेंचणूक आयोगान हेर राज्यांच्यो वेंचणूको जाहीर करताना काल फोंडा पोटवेंचणुकेची तारीख जाहीर केली. 4 मे क मतमेजणी जातली. नेमा प्रमाण आमदाराक मरण आयिल्या उपरांत 6 म्हयन्या भीतर पोटवेंचणूक घेवप गरजेचे थारता. वेंचणुकेची अधिसूचोवणी आज जाहीर जातली तर 23 मार्चाक उमेदवारी अर्ज भरपाची निमणी तारीख आसा. 24 मार्चाक अर्जांची छाननी जातली जाल्यार 26 मार्चाक अर्ज फाटी घेवक मेळटले. 9 एप्रिलाक मतदान जातलें आनी 4 मे क मतमेजणी जातली.

Ganesh / Rashmi saras

येत्या डिसेंबर मेरेन राज्यातल्या आप मजत गटांची वर्सुकी ऊलाढाल 500 कोटी मेरेन वाडपोचे सरकाराचे उद्दीश्ट आसा, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. कांपाल बांदोडकार मैदानाचेर सरस प्रदर्शनाचो समारोप जालो. हे वेळार मुखेलमंत्री उलयतालें. विकसित भरत करतना नारीशक्तीक  सक्षम करपाच्या हेतान सरकारा वेगेवगळे उपक्रम राबयता. सरस लेगीत तोचच एख भाग अशे मुखएलमंत्र्यान म्हळा.

Hastkala

१५ मार्चक डोना पावला हांगा आंतरराष्ट्रीय केंद्रात वेगवेगळ्यो भारतीय आदिवासी हस्तकला प्रदर्शित करपी गांधी शिल्प बाजाराचे उक्तावण जाले.हे प्रदर्शन आसाम लघु उद्योग विकास महामंडळाने आयोजित केला आणि राष्ट्रीय हस्तकला विकास कार्यक्रमांतर्गत वस्त्रोद्योग मंत्रालयाच्या विकास आयुक्त यांनी प्रायोजित केला.24 मार्च मेरेन दर दिसा दनपारां 2 ते 10 मेरेन हो  बाजार उक्तो उरतलो.

हवामान ४०

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान 33.7 डिग्री सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे 26 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. फुडले काय दिस राज्यत हवामान सुकें आसतले

खेळ ४०

गोवा सुपर लीग फुटबॉल सर्तीत क्लब द साळगाकर पंगडान शापोरा युवक पंगडाचेर ३-१ गोल फरकान मात केली. जाल्यार बाणावलीत जाल्या गोवा रिलीगेशन लीग सर्तीत गोवा पोलिस पंगडान चर्चिल ब्रदर्स्साचेर १-० अशे जैत जोडले.